Akashwani panaji national news 8.40 am 7th June

- **प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला शेनवारा पीएम-आर्थीक सल्लागार मंडळाच्या वांगड्यांची बसका जाली.**
- **आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर अर्थीक वेव्हार, इमारती बांदप, मालमत्तेची विक्री आनी खरेदी हांचेर चड खर नदर दवरपाचो उलो केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी मारला .**
- **बायलांच्या सुरक्षेक आनी अर्थीक स्वातंत्र्याक व्हड चालना दिवन तेलंगणा बायलां सुरक्षेच्या विभागान 'Stree Ride' सुरू केला.**
- **विदेश व्वेहार मंत्री dr s जयशंकर हांचे वांगडा भारत-इंडोनेशिया संयुक्त आयोगाचे आठवे बसकेचे सह-अध्यक्षपण करपा खातीर इंडोनेशियाचो विदेश वेव्हार मंत्री सुगियोनो नवी दिल्लीत पावले.**

---------------------------

Mango Festival

भारतीय आंब्याचो प्रसार आनी आस्वाद घेवपाचो उत्सव म्हळ्यार Mango Magic Festival लाची दुसरी आवृती काल अमेरिकेंतल्या सिएटलांत जाली. प्रदर्शनांत आशिल्ल्या भारतीय आम्यामच्यो सात जाती, तातूंत महाराष्ट्रांतले आंध्र प्रदेशांतले, उत्तर प्रदेशांतले आनी गुजरातांतल्यान हांचो आस्पाव आशिल्लो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन कि बात कार्यावालीच्या मध्यामात्ल्यान आंब्याचा उत्पन्ना कडेन जुलपी शेतकर भाव भाय्न्या ची तोख्णाय करतलो अशे सांगले. Byte

---------------------------

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला शेनवारा पीएम-आर्थीक सल्लागार मंडळाच्या वांगड्यांची बसका जाली. संवसारीक अस्थिरतायेच्या काळांत भारताची अर्थीक वाड आनीक वाडोवपा खातीर वेगवेगळ्या विचारांचेर आनी उपायांचेर

प्रधानमंत्री आनी मंडळाच्या वांगड्यानी उलोवणी केली. तशेंच जिणेची सोय आनी वेवसाएचे  वेगवेगल्या  सुदारणां विशीं चर्चा जाली. अस्तंत आशिया संघर्शाचो भारत आनी संवसाराचेर कितलो परिणाम जातलो हाचे विशींय वांगड्यांनी आपलें विचार माडले .सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत भारताच्या अर्थीक रुपांतरा संबंदीत आनी दीर्घकालीन उदरगतीच्या प्राधान्यां संबंदीत विंगड विंगड प्रस्नांचेर तांणी विचार केला अशें प्रधानमंत्र्यांनी   सांगलें. तशेंच सुदारणा प्रवासांत चड गती जोडपाचेर आनी इज ऑफ लिव्हिंग तशेंच ईज ऑफ डूइंग बिझनेस सुनिश्चीत करपा विशीं तांणी चर्चा केली.अर्थीक सल्लागार मंडळ ही एक स्वतंत्र संस्था आसून ती भारत सरकाराक खास करून प्रधानमंत्रीक अर्थीक आनी संबंदीत प्रस्नांचेर सल्लो दिता. ह्या आर्थिक मंडळाच्या  वांगड्यां भायर प्रधानमंत्रीचे दोन मुखेल सचीव डॉ पी के मिश्रा आनी शक्तिकांत दास हेय बसकेक हाजीर आशिल्ले. एस महेंद्र देव अध्यक्ष, जाल्यार पूर्णवेळ वांगडी संजय कुमार मिश्र, संजीव सान्याल आनी शमिका रवी आसात.

---------------------------

Shah

आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर अर्थीक वेव्हार, इमारती बांदप, मालमत्तेची विक्री आनी खरेदी हांचेर चड खर नदर दवरपाचो उलो केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी  मारला . ईशान्य राज्यांतल्या शिमेवयल्या वाठारां संबंदी बीएसएफच्या त्रिपुरा फ्रंटियर मुख्यालयांत मंत्री शाहाच्या अध्यक्षते खाला जाल्ले बसके वेळार हो निर्देश दिला. तशेंच फाटल्या पांच वर्सांच्या जमनीच्या नोंदींची तपासणी करची अशें गृहमंत्र्यानि निर्देश दिले.घुंवली वखदां  आनी शस्त्रां वेव्हारा आड  कारवाय करची पडटली, आनी घुंवळी वखदां  वेव्हारांत योगदान दिवपी पुराय साखळी बर्या पद्दतीन हाताळपाक जाय अशें मंत्री शाहा हाणी  सांगलें.

---------------------------

Jaishankar

विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी 2015 वर्साच्या भूंयकांपा उपरांतच्या पुनर्बांदणी कार्यावळी खाला 72 भलायकी सुविधा आनी 12 सांस्कृतीक दायज प्रकल्प नेपालाक चालिक लाय्ले . नवी दिल्लींत भेट दिवपी नेपाळी समकक्ष शिसिर खनल हंचा कडेन उलयल्या उपरांत तांणीहि म्हायती दिली . शिमेभायर खाजगी पयशे धाडपा खातीर सुविधा दिवपा खातीर युपीआय इंडिया आनी नेपाळाच्या नॅशनल पेमेंट्स इंटरफेसा मदलो संबंद दोनूय फुडाऱ्यांनी संयुक्तपणान सुरू केलो. तशेंच नेपाळा खातीर 'आवाज पयली' भास अणकार माचये खातीर राष्ट्रीय डिजिटल मुळावी बांदावळ सह-निर्मिती खातीर डिजिटल इंडिया भाशिनी आनी कठमांडू विद्यापिठा मदीं समन्वय पत्राची अदलाबदल जाल्ल्याचेंय दोनूय फुडाऱ्यांनी पळयलें. खनाल हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत उक्तावण उलोवपांत विदेश वेव्हार मंत्री dr जयशंकर हांणी , भारत आनी नेपाळ आपल्या खाशेल्या शिमेचेर सुरक्षा सांबाळपा खातीर लागींच्यान सहकार्य करतात आनी दोनूय देश गरजेच्या वेळार सदांच एकामेकां वांगडा उबे रावल्यात.

---------------------------

NEET

नीट (यूजी) 2026 परिक्षा प्रस्नपत्रिकाची लीक, आगाऊ प्रवेश वा विक्री करपा संबंदी सोशल मिडिया आनी संदेशन प्लॅटफॉर्मांचेर पातळिल्ले दावे राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी कडल्यान न्हयकारल्यात. परिक्षा प्रक्रियेची अखंडताय पुरायपणान अखंड उरल्या आनी उमेदवारांक सुरक्षीतपणान परिक्षा दिव्पक मेळची हे खातीर गरजेच्यो सगळ्यो सुरक्षा उपाय येवजण्यो आसात अशें एजन्सींन स्पश्ट केलां.

---------------------------

Bengal

दक्षिण बंगालाचे मुख्यमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगलां की, दक्षिणेश्वर, कालीघाट देवळां अशा राज्यभरांतल्या मुखेल धर्मीक सुवातींनी सुविधा सुदारपा खातीर भाजपा सरकार व्हड उदरगतीचे उपक्रम करतले . तांणी गंगासागर मेलाक आंतरराष्ट्रीय

पांवड्यार व्हरपा खातीर काम सुरू जालां, जाल्यार दक्षिणेश्वर आनी कालीघाट सारक्या नामनेच्या धर्मीक स्थळांचेर सुविधा खूब वाडयतले. कोलकातांतल्या एका कार्यावळींत उलयतना सुवेंदू अधिकारी हांणी , तारकेश्वरांत येवपी 'श्राबणी मेला'ची भव्य वेवस्था जातली अशे सांगलें . फाटल्या तृणमूल कॉंग्रेस प्रशासनाचेर जाप दितना मुख्यमंत्र्यानी फाटल्या 15 वर्सांत अस्तंत बंगालाक 'रोजगार संदिची तीव्र उणाव आनी वेवस्थीत भ्रश्टाचार' जाला असो आरोप केला.

---------------------------

Sugiono

विदेश व्वेहार मंत्री dr s जयशंकर हांचे वांगडा भारत-इंडोनेशिया संयुक्त आयोगाचे आठवे बसकेचे सह-अध्यक्षपण करपा खातीर इंडोनेशियाचो विदेश वेव्हार मंत्री सुगियोनो नवी दिल्लीत पावले. विदेश वेव्हार मंत्रालयान सोशल मिडिया पोस्टांत , हे बसके वेळार दोनूय मंत्री भारत आनी इंडोनेशिया मदल्या व्यापक रणनिती भागीदारीचो नियाळ घेतले आनी द्विपक्षीय सहकार्याक आनीक घतमूट करपाचे मार्गांचेर चर्चा करतले अशे कळायला .

---------------------------

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल गुजरात आनी दमनाक भेट दिली. रस्तो, वीज आनी उद्देगीक क्षेत्रांतल्यान सुरातांत 18 हजार 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तवान करून तानी राष्ट्रक समर्पित केले . तशेंच सूरतांत 200 खाटींच्या ईएसआयसी हॉस्पिटलाचें उक्तावण तानी केले . तशेंच गुजरात सरकाराच्या जायत्या म्हत्वाच्या उपक्रमांचें उक्तावण प्रधानमंत्र्यांनी केले , तातूंत आधुनीक वीज वितरणांत सुदारणा, प्रगत निर्वाह विलोपन आनी उपचार मुळावी बांदावळ हांचो आस्पाव जाता. प्रधानमंत्री मोदी दमनांत सुमार दोन हजार 970 कोटी रुपयांच्या उदरगतीच्या प्रकल्पांचो बुन्याद घाली. हे प्रकल्प भलायकी जतनाय, नागरी विमानन, पर्यटन, मुळावी बांदावळ, जोडणी आनी भौशीक कल्याण

ह्या सारक्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांतले आसात. तशेंच प्रधानमंत्री सुमार एक हजार 340 कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचें उक्तावण करून राष्ट्रक समर्पित केले, तातूंत नामो विमानतळाची नवी टर्मिनल इमारत आनी नामो हॉस्पिटल हांचो आस्पाव आसा. नव्या विमानतळ टर्मिनलाक लागून प्रादेशिक हवाई जोडणी खूब वाडटली आनी ह्या वाठारांत अर्थीक वाड करपाक मेळटली. मुखार प्रधान्मान्त्र्यानी २०२५-२०२६ आर्थिक वर्सा भारताची वाढ ७.७ टक्के अशिल्ली अशे तानी सांगले byte

---------------------------

Telangana

बायलांच्या सुरक्षेक आनी अर्थीक स्वातंत्र्याक व्हड चालना दिवन तेलंगणा बायलां सुरक्षेच्या विभागान 'Stree Ride' सुरू केला. हो एक आगळोच उपक्रम सुरू केला, जो सगळ्या बायलां खातीर कॅब, ऑटोरिक्शा, आनी इलेक्ट्रीक सायकलची वळख करून दिता. काल डीजीपी सीव्ही आनंदान अधिकृतपणान चालिक लायील्ल्या ह्या उपक्रमाक  लागून बायल प्रवाशांनी ओला, उबेर, आनी रॅपिडो सारकिल्या लोकप्रिय एग्रीगेटरां वरवीं फकत बायलां कडल्यान चलपी रायड्स बुक करपाक मेळटात. ह्या उपक्रमांतल्यान बायलां सुरक्षेच्या विभागान आपल्या पोर्टला वरवीं 55 बायलांक वेंचून काडले आनी तांकां इलेक्ट्रीक वाहनां खरेदी करपा खातीर अर्थीक मजती वांगडाच वेवसायीक वाहन चालक प्रशिक्षण दिलें.

---------------------------

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज  कर्नाटक, केरळ आनी माहेत एकसुरे सुवातीनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. ईशान्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी अंदमान आनी निकोबार जुंवे, कर्नाटक, कोंकण आनी गोंय, लक्षद्वीप, महाराष्ट्र, हिमालय, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, पुडुचेरी ह्या वाठारांनीय पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे सांगला

---------------------------

Sports

सैफ बायला 2026च्या वास्तद्पण फायनलींत भारतान डिफेंडिंग चॅम्पियन बांगलादेशाचेर 3-1 अशे जैत जोडून विक्रमी सवे खेपे खिताब जिखलो. काल गोंयच्या मडगांवांत ही मॅच जाली.

----------------------------